वि . वि . म
रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय
कोंब मडगांव गोंय
पयली सत्र परीक्षा ऑक्टोबर २०२४
विशयः कोंकणी

यत्ताः बारावी
तारीखः २२|१०|२०२४

वेळः ३ वरां
गुणः ८०

---

सुचवण्योः

1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
2. प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गुण धरचे.
5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 हया प्रस्नाक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. दिपकावणेक पांयांत जोतें घालुन कित्याक वचनात? 1

2. वासुदेवबाबा विशीं लेखकाची कल्पना कितें आशिल्ली ? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. पादरी चीट वाचीना , वडील माटव......
म्हज्या तुज्या बऱ्या फाल्यां सोयऱ्या सावळी..... 2
(येवीना , रचीना , घालीना, वेचीना)

4. उगत्या ......... तेंकून धगा 2
......दियात सगळया जगा
( खळार, याद , साद , मळार )

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| (i) वेळेवयली रेवेघरां | . श्री. रवींद्र केळेकार | 1 |
| (ii) जाण्टे आमकां देवासमान | . श्री. प्रकाश पर्येकार | 1 |
| (iii) अठरा जून | . श्री. दामोदर मावजो | 1 |
| | . डॉ.हरिश्चंद्र नागवेंकार | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयातः

6. गोमटें गोंय कवितेंत कवीन सैमाचो आनी गोंयच्या संगिताचो संबंद खंयच्या प्रतिकांनी दाखयला? 3
वा
'आयज तूं येतलो देखून' हे कवितेंतली मोनजात आपणाली भावना कशी उक्तायता ?

7. आपले मोगिकेलागीं लग्न जावपाक सोदपी मोगी तरणाटयाची बंडखोर वृत्ती कवीन हे कवितेंत कशी उक्तायला? 3

वा

होळये परबेची प्रतिकात्मकता स्पश्ट करात .

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयात:

8. सत्याग्रहाचे पूर्वतयारेचेर डॉ. लोहियांचो भावार्थ कित्याक नाशिल्लो ? 4

वा

आपले मरण लागी आसा हे खबर आसुनूय दोतोर जिणेविशी आशावादी कसो आसा ?

9. शियाळ्या दिसांतल्या दिपकावणेचे वर्णन करात. 4

वा

भुरग्यान अर्द फुटके ताट आरमारीत सांबाळून कित्याक दवरले,ते स्पश्ट करात.

सकयल दिल्ल्या पद्यांशाचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. मृदगाचो बोल जसो
दुदाचो घसघसो
पानां पवनां मारता मोखून
वाऱ्या वांगडा पिपळ पिसो

वा

माजर बसलां हुमरो राखीत
गोठ्यां म्हसरां हांबे हांबे
भुरकटून नाचता लापीट.

सकयल दिल्ल्या विधानांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. 'आरे , कोणालो रे तूं ? रडटा कित्याक ?'

वा

'ही माती हागासल्लीच,ती म्हणू व्हरू येता?.'

विभाग ब (व्याकरण)

सकयल दिल्ली वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12. पूण हांवें हया नियमाचे पालन केन्ना केला? (न्हयकारी करात) 1

13. आई हांव मामागेर शिगम्याक वयता . ( प्रस्नार्थी करात ) 1

14. भजी तळून जायना फुडे शामी म्हाका (जेवप) आपयता. (कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात ) 1

15. लोहिया ज्युलियांवागेर रावूक आयिल्लो. (भविश्यकाळांत करात ) 1

वा

म्हज्या पोराक सांबाळून हाडशात? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतराच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य
त्या वाक्प्रचाराचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16. आयजकालचे विद्यार्थी शिक्षकांक मान दिनात 1

17. खबर आयकनाफुडे विशालाक भय दिसालो 1
( तिडक येवप , फुटके पायलेन मेजप, अनुमान काडप, आंग काडप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

18. अस्तंत 1

19. उतार 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. कर्तृत्व 1

21. दुस्वास 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. मनीस 1

23. खार 1

24. प्रसन्न 1

सकयल दिल्ल्या ओपारींचो अर्थ बरयात.

25. शितावरवी भाताची परिक्षा 1

26. हांगा न्हंय थंय बांय 1

27. सदांच मरता ताका कोण रडटा ? 1

वा

चोराच्यो वाटो चोरांकूच खबर

सकयल कंपसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

28. नुस्ते सांबाळपाचे काम भुरग्यांचें ,हया कामाखातीर म्हज्या भावाची निवड......... हाव ल्हान आशिल्ल्यान 'तुका गुण्यांनी चलूंक कळचें ना'अशें सांगुन म्हाका दिपकावणेक व्हरपाचे ......... .पूण म्हजो हट्ट कायम .......... .दियो पेटोवचे पयली हांव शेणूल आनी पिशवी घेवन तयार .......... .
( रावप , धांवप , टाळप , जावप , आसप , पळप )

29. 'स्त्रमाचे म्हत्व' हया विशयाचेर शिक्षक/विद्यार्थ्यां मदी जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. शांतादुर्गा उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'शिक्षक दीस' हे कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

शेतकार करीत आयला तें काम ताणें आपणांकडेन परंपरेन आयला म्हणून स्विकारला. तो तें आपणाले कर्तव्य आनी पोटाची , कुटुंबाची राखण म्हणून करीत आयला. ताणे आपूण करतां त्या कामाच्या तुलनेन , दुसऱ्या वर्गातली व्यक्ती कितले कमयता हाचो हिशोब करूंक ना.आज शेतीचो विकास करतल्याक वेगळीच जोड जावपाची खात्री जाल्या. ती शेती सुदारिल्ल्या पद्दतीन करून आनी तिका लागपी आवतां , सारी आनी वखदांची जोड दितकीर शेतीचो विकास भरपूर करूं येता. आज इतली म्हारगाय वाडली तरीकय शेतकरी वर्ग जाय त्या प्रमाणांत श्रीमंत जाल्लो ना. तांचे काय भुरगें शिक्षण सारकें घेनात आनी वायट व्यसनांनी भागी जातात . ताणी घरचे , गांवच्या भल्याचे , करीत रावचें अशी अपेक्षा आसता . दुसऱ्यांच्या कश्टांचेर जगपाक आनी आयते खावपाक सोदपाची वृत्ती बंद जावपाक जाय .

प्रस्नः

31. शेतकार शेतकाम कित्याखातीर करीत आयला ? 1

32. शेतकारान कसलो हिशोब करूक ना ? 1

33. शेतकारांच्या भुरग्यांकडल्यान कितें अपेक्षा आसता ? 1

34. वयल्या उताऱ्यांत कसली वृत्ती बंद जावपाक जाय अशें म्हणला ? 1

35. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. विशाल/विशा गांवकर, घर न.१०४ , मांद्रे , पेडणे गोंय साकून सकयल
दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
| --- |
| प्रयोगशाळा सहायक (Laboratory Asst.)<br>शिक्षणीक पात्रतायः बारावी पास<br>संगणकाचें गिन्यान<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः वेवस्थापक (Manager)<br>सारस्वती उच्च माध्यमिक विद्यालय<br>म्हापशें गोंय. |

37 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

- मायभाशेची व्हडवीक
- हांव समाजसेवक आशिल्लो जाल्यार
- हांवे वाचिल्ले पुस्तक
- एका वृध्दाश्रमाची आपजीण

*****************